राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं

ता. 16 ऑक्टोबर 2026

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या सगळ्यां लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "दुर्गा पूजा हो वायटाचेर सद्‌गुणांचे, अन्यायाचेर न्यायाचे आनी असत्याचेर सत्याचे जैत मनोवपाचो सण आसा. शक्ती, धैर्य, करुणा आनी ईश्वरी कृपेचे प्रतीक आशिल्ल्या दुर्गा मातेची उपासना, आमकां दृढनिश्चयान आव्हानांक तोंड दिवपाक आनी श्रद्धा आनी चिकाटीन संकटांचेर मात करपाक आमच्या प्रत्येका मदल्या शक्तीचो उगडास करून दिता."

राज्यपाल फुडें म्हणटा, "ह्या पवित्र प्रसंगार, आमी शांतीकाय, एकजूट, सहिष्णुताय आनी मानवी प्रतिष्ठा ह्या मूल्यांप्रति आपली वचनबद्धताय आनीक मजबूत करूया. दुर्गा मातेचो दिव्य आशीर्वाद आमकां समाजाच्या कल्याणा खातीर आनी प्रगती खातीर काम करपाची ताकद दिव आनी गरजूंप्रति दया आनी करुणा दाखोवपाची प्रेरणा मेळू."

राज्यपाल म्हणटा, "देवी दुर्गा मातेन आमकां सगळ्यांक प्रत्येक आव्हानाचेर मात करपाची ताकद आनी बुद्धी दिवची आनी एका उज्ज्वल, शांततापूर्ण आनी समृद्ध फुडारावटेन मार्गदर्शन लाभचे. तिच्या दिव्य आशीर्वादान प्रत्येकाक खुशालकाय, बरी भलायकी, शांतीकाय आनी समृद्धी लाभची."

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/649

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.